# कांदोळी हांगा दर्यात पांदऱ्यात नुस्ते पोसपाच्या फार्माचे उक्तावण

ता. 1 नोव्हेंबर 2022

उत्तर गोंयांतल्या कांदोळी हांगा श्री. शेल्डन फर्नांडिस हांणी गोंय राज्य मेरीकल्चर येवजणेखाला पांदऱ्यात नुस्ते पोसपाचे ओपन सी केज फार्म सुरू केला. अशें फार्म सुरू करपी राज्यांतले ते पयले वेवसायिक आसात. गोंय सरकाराच्या नुस्तेमारी खात्यान श्री. शेल्डन फर्नांडिस हांका कांदोळी हांगा पांदऱ्यात नुस्ते पोसपाचे ओपन सी केज फार्म सुरू करपाक परवानो दिला. ते भारत सरकार नुस्तेमारी विभाग केंद्र पुरस्कृत तशेंच राज्य सरकाराच्या नुस्तेमारी खात्याच्या येवजणेचेय लाभार्थी आसात.

गॅल्वनाइज्ड लोखणापासून तयार केल्ल्या 6 मीटर रूंद आनी 5 मीटर खोल आशिल्ल्या पांदऱ्यांनी चणक आनी सिल्व्हर पोम्पॅनो नुस्ते पोसपात येतले. सध्या 5 पांदऱ्यांनी नुस्ते पोसपाक सुरूवात केल्या. सेंट्रल मरीन फिशरीज रिसर्च इन्स्टिट्यूट (CMFRI), कारवार हांचे मार्गदर्शन घेवन हो प्रकल्प सुरू केला.

गोंय सरकाराच्या नुस्तेमारी वेवसाय खात्याच्यो संचालीका डॉ. शर्मीला मोंतेरो हांच्या हस्तुकीं गेल्या शुक्रारा दिसा ओपन सी केज कल्चर फार्माचे उक्तावण जालें. कारवारच्या CMFRI चे शास्त्रज्ञ डॉ सुरेश बाबू पीपी, डॉ अनुराज ए आनी नुस्तेमारी वेवसाय खात्याचे अधीक्षक श्री चंद्रेश हळदणकर ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें. मॅरीकल्चर वेवसायात भरपूर वाव आसून पांदऱ्यात नुस्ते पोसपा खातीर मॅरीकल्चर धोरण अधिसूचीत करपी गोंय हे भारतातले पयले राज्य आसा.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/675

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji